**जैव संपदा मंडळाच्या उपक्रमांचे फाल्या उक्तावण**

ता. 13 सप्टेंबर 2022

गोंय राज्य जैव संपदा मंडळाच्या तीन उपक्रमांचे फाल्या ता. 14 सप्टेंबराक उक्तावण जातले. सकाळी 9.30 वरांचेर कुडतरी हांगा जैव संपदा वेवस्थापन समितीच्या कार्यालयांत पयल्या कम्युनिटी सीड बँकेचे पर्यावरणमंत्री श्री. निलेश काब्राल, नामनेच्यो पर्यावरण कार्यकर्ती आनी लेखीका डॉ. वंदना शिवा हांच्या हस्तुकीं कुडतरीचे आमदार श्री. आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स, जिल्हा पंचायत वांगडी, सरपंच आनी जैव संपदा वेवस्थापन समितीच्या वांगड्यांच्या उपस्थितीत उक्तावण जातले.

उपरांत दनपारां 12.00 वरांचेर पणजी रेजिडन्सीच्या दालनात गोंय विक्री केंद्र आनी नवधान्य केंद्राचे उक्तावण जातले आनी सांजेच्या 4.00 वरांचेर पणजे आयनॉक्स प्रकल्पात गोंय करमणूक संस्थेत अन्न उत्सवाचे उक्तावण जातले. त्यापरांत 4.30 वरांचेर चर्चासत्र जातले. ह्या कार्यक्रमाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, पर्यावरणमंत्री श्री. निलेश काब्राल, मंडळाचे वांगडी सचीव डॉ. प्रदीप सरमोकादम जैव संपदा वेवस्थापन समित्यांचे वांगडी, शेतकार उपस्थित आसतले. इत्सुकांनी चर्चासत्रा खातीर सांजेच्या 4.30 वरांचेर गोंय करमणूक संस्थेच्या सभाघरांत हजर रावचे, अशें आयोजकानी कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/529

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji